# बसकेत केंद्र सरकारच्या येवजणांचो नियाळ

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतेखाला काल जाल्ल्या सरकारी सचिवांच्या उच्चस्तरीय बसकेत केंद्र सरकार पुरस्कृत विंगड विंगड येवजणांचो नियाळ घेतलो. तशेंच मुख्यमंत्री फेलोशिप कार्यक्रम आनी भविश्यकालीन परिवर्तनाखातीर गोंय संस्था, आत्मनिर्भर भारत येवजणेखाला केंद्रीय निधी मेळोवपाखातीर सल्लागारांचे पॅनल नेमप अशां विशयांचेरय बसकेत चर्चा जाली.

मुख्यमंत्र्यान संबंदीत अधिकाऱ्यांक विंगड विंगड येवजणांची अंमलबजावणी करून तांची योग्य तरेन अंमलबजावणी जाता की ना हाचेर देखरेख दवरपाचे निर्देश दिले.

सुरवातीक नियोजन, सांख्यिकी आनी मूल्यांकन खात्याचे जोड संचालक डॉ. सुरेश शानभोगे हांणी वेगवेगळ्या खात्यांमार्फत राबोवपात येवपी विंगड विंगड येवजणांची माहिती उपस्थितांक दिली.

मुख्य सचिव श्री परिमल राय, प्रधान वित्त सचिव श्री पियुष गोयल, महसूल सचिव श्री संजय कुमार, मुख्यमंत्र्यांचे सचिव श्री जे. अशोक कुमार, कृशी सचिव श्री चोखाराम गर्ग, भलायकी सचिव श्री रवी धवन, नगरविकास सचिव श्री तारिक थॉमस, रानां खात्याचे सचिव श्री पी एस रेड्डी, उदकास्त्रोत खात्याचे संचालक श्री प्रमोद बदामी आनी हेर अधिकारी बसकेक उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/557